आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :01/02/2025

6.30 PM

90

पुस्तकां वाचप हो फकत छंद न्हय जाल्यार एक परिवर्तनकारी अणभव आसा अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. तांणी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत संवसारीक पुस्तक मेळाव्याचे उक्तावण केले . पुस्तक वाचनाची संस्कृताय वाडवपा हेतान फाटल्या पांच दशकां सावन नॅशनल बुक ट्रस्ट आनी शिक्षण मंत्रालय हो पुस्तक मेळावो आयोजीत करता. हो पुस्तक मेळावो भारताच्या सांस्कृतीक विविधतायेची अभिव्यक्ती आसा अशें तांणी सांगलें. भुरग्यांखातीरच्या पुस्तकांचे निर्मणी  आनी प्रचाराक खासा भर दिवचो असो उलो तांणी ह्यावेळार मारलो. णव दीस चलपी ह्या पुस्तक मेळाव्यात  फ्रांस, आर्जेन्टिना, स्पेन, कोलंबिया, अबू धाबी, कतार सयत 50 परस चड देश वांटो घेतात.

55

आयज भारतीय तटरक्षक दळाच्या स्थापणूक दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशाच्या विशाल दर्यादेगेची राखण करपाच्या सेवेत दळाच्या शौर्य, समर्पण आनी दक्षतायेखातीर तांची तोखणाय केल्या. भारतीय तटरक्षक दळ दर्यावेल्या सुरक्ष सयत आपत्ती प्रतिसाद  तस्करी आडवप आनी पर्यावरण जतनाय करपाचे काम करता तशेच देशाच्या दर्यावेळो आनी लोकांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करता अशें मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांवरवी म्हळा .

45

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड कुंभमेळयक भेट दिवपाखतिर  प्रयागराजात पावले .उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी विमानतळार उपराष्ट्रपतीक येवकार

दिलो. गंगा, यमुना, सरस्वती न्हंयच्या त्रिवेणी संगमांर  पवित्र स्नाना उपरांत ते प्रयागराजांतल्या अक्षयवत आनी बडे हनुमान देवळाक भेट दितले. तशेंच डिजिटल महाकुंभ अणभव केंद्रांत आधुनीक तंत्रगिन्यानावरवीं महाकुंभाचो अणभव घेतले

320

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमन  हांणी आयज लोकसभेंत 2025-26 वित्तीय वर्साचो अर्थसंकल्प सादर केलो. ह्या अर्थसंकल्पाक लागून अर्थीक वाड जातली, समावेशी उदरगतीक चालना मेळटली, खाजगी क्षेत्रांतल्या गुंतवणुकेक उर्बा मेळटली सामान्य मनशाची आकांक्षा वाडटली आनी मध्यमवर्ग आनीक घटमूट जातलो अशें सीतारामन हांणी सांगलें. तशेंच ह्या अर्थसंकल्पांतल्यान कर, उर्जा, शार उदरगत, खण, अर्थ आनी नियामक मळार सुदारणा जातली अशें ताणी सांगलें.  फुडल्या सप्तकांत येणावळ करार्चे नवें विधेयक हाडटले अशें अर्थमंत्रीन जाहीर केलें. कर सवलतीच्या सुविधेक लागून 12 लाख रुपया मेरेन येणावळ आशिल्ल्यांक नव्या करसंरचने खाला कसलोच येणावळ कर आसचो ना. तांणी आयज नव्या कर संरचनेंतल्या कर दरांत दुरुस्ती करपाची घोशणा केली. ते प्रमाण चार लाख रुपया मेरेन येणावळीचेर कर ना. चार ते आठ लाख रुपयां येणावळीचेर पांच टक्के आठ ते बारा लाख रुपया येणावळीचेर धा टक्के बारा ते सोळा लाख रुपया येणावळीचेर पंदरा टक्के सोळा ते वीस लाख रुपया येणावळीचेर वीस टक्के

आनी 20 ते 24 लाखां परस चड येणावळीचेर  25 टक्के  आयकर भरचो पडटलो. हाचे भायर टीडीएस आनी टीसीएस खातीर जायत्यो सुदारणा जाहीर केल्यो. सुदारीत आयकर विवरण पत्र भरपाची मुजत आतां 2 वर्सां वयल्यान 4 वर्सां मेरेन वाडयल्या.

देशातल्या 100 आकांक्षी जिल्ह्यांनी प्रधानमंत्री धनधान्य कृशी येवजण चालीक लायताले. उत्पादन वाडोवप, टिकावू शेती पद्दत आपणावप आनी शिंपणावळ सुविधा सुदारपाहेतान किसान क्रेडीट कार्डा वरवीं साडे सात कोटी परस चड शेतकार, नुस्तेकार आनी दुद उत्पादकांक पांच लाख रुपया मेरेन रीण मेळटलें.

ग्रामीण समृध्दी आनी लवचीकता कार्यावळ चालीक

लायतले हाचे वरवीं शेती मळार बायलां, तरणाटे शेतकारांक कुशळटाय आनी तंत्रगिन्यान प्रशिक्षण मेळटलें. तेलबियां खातीर राष्ट्रीय मोहीम चालीक लायतले. तुर, उराद, आनी मसूर दाळीचेर लक्ष केंद्रीत करून 6वर्सांची आत्मनिर्भरताय कार्यावळ तयार करतले तशेच नाफेड आनी एनसीसीएफ नोंदणीकृत शेतकारांकडल्यान थेट दाळ खरेदी करतले. अर्थसंकल्पांत कॅन्सर, दुर्मिळ दुयेंस आनी हेर गंभीर दुयेंसां खातीर आशिल्ल्या 36 वखदांवेल्या आयात करांत पुराय सुट दिल्या. ल्हान, सूक्ष्म आनी मध्यम उद्देगांखातीर गुंतवणूक मर्यादा अडेज पटींनी वाडोवपाचो प्रस्ताव स्टार्टअपां खातीर रिणाची हमी एक टक्के वाडून 20 कोटी रुपया मेरेन वाडोवपाचो प्रस्ताव तशेच विमो क्षेत्रांत प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूकची मर्यादा 74 टक्क्यां वयल्यान 100 टक्क्यां मेरेन वाडोवपाचो प्रस्ताव आसा.

केंद्रीय अर्थसंकल्पांतल्यान 140 कोटी भारतीयांची आकांक्षा पुराय करपाची सरकाराची वचनबद्धताय दिसून येता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. भारताच्या उदरगतित हो अर्थसंकल्प मैलाची फातर थारतलो आनी तो दरेका भारतीयाचे सपन पुराय करतलो अशें तांणी म्हळा . भारतीय वाणिज्य आनी उद्देग संघटणेन पर्यटन आनी दर्यावाठाराचेर लक्ष केंद्रीत करपी अर्थसंकल्पाक येवकार दिला. जाल्यार अर्थसंकल्पांत मध्यमवर्ग आनी देशांतल्या तरणाट्यां खातीर कांयच ना अशें सांगून विरोधी फुडाऱ्यांनी सरकाराचेर टिका केल्या.

35

फाल्यां नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत भारतीय नौदळाची पयली अर्द मॅरेथॉन सर्त जातली. खेळां मंत्री मनसुख मांडाविया ह्या कार्यावळीचें उक्तावण

करतले. हे सर्तींत 21 धा आनी पाच किलोमिटर ह्या तीन श्रेणित धा हजारां परस चड सर्तक वांटेकार जातले.

40

भारतीय हॉकीं लीग सर्तीच्या निमण्या खेळात आयज रौरकेलाच्या बिरसा मुंडा हॉकी स्टेडियमांत हैदराबाद टूफान्स  श्राची राह बंगाल टायगर्स पंगडा आड खेळटलो.

हो खेळ रातच्या 8.15 वरांचेर सुरू जातलो .

मजगतीं, तिसऱ्या सुवतेखातीर जेएसडब्ल्यू सूरमा हॉकी क्लब आनी तमिळनाडू ड्रॅगन्स पंगडामंदी खेळ जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.  आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर  नमस्कार